# संवसारीक जीवशास्त्रीय विविधताय दीस

ता. 18 मे 2020

जून 1992 वर्सा रिओ द जेनेरो हांगा जाल्ल्या भुंय शिखर परिषदेत जीवशास्त्रीय विविधतायेच्या परिषदेचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा 22 मे क जगात ससंवसारीक जीवशास्त्रीय विविधताय दीस मनयतात.

गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळान पर्यावरण, रानां आनी हवामान बदल मंत्रालय आनी राष्ट्रीय जैवविविधताय प्राधिकरणाच्या सहकार्यान ता. 22 मे 2020 दिसा हया वर्साच्या राज्य पातळीवयल्या संवसारीक जीवशास्त्रीय विविधताय दीस कार्यक्रमाचे आयोजन केला. कोवीड-19 दुयेंसाच्या संसर्गाक लागून हया वर्सा 22 मे 2020 दिसा सकाळीं 11.30 वरांचेर ऑनलायन कार्यक्रम जातलो.

पर्यावरणमंत्री आनी मंडळाचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल हांच्या रिकॉर्ड केल्ल्या संदेशान कार्यक्रमाक सुरवात जातली. उपरांत मंडळाचे अध्यक्ष आनी सदस्यांमदी चर्चा जातली.

तशेंच उत्तराखंड विद्यापिठाचे उपकुलगुरू डॉ. राकेश शाह, नालंदा विद्यापिठाच्या पर्यावरण विभागाचे असोसिएट प्रोफेसर डॉ. पुष्प कुमार लक्षमणन हांचे रिकॉर्ड केल्ले उलवप सत्र जातले.उपरांत संवसारीक ओलित क्षेत्र दीस 2020 निमतान आयोजीत केल्ल्या तरेकवार सर्तीच्या जैतवंतांची नावां जाहिर करतले.

तशेंच मंडळावतीन लधुपट आनी फोटोग्राफी सर्तीची घोशणा जातली. सर्तीचो विशय आनी नेम मंडळाच्या https://gsbb.goa.gov.in/ हया संकेतथळार उपलब्ध आसा.

तशेंच जैव विविधताय जतनावयल्या सुविधा कार्यक्रमाचेय उकतावण जातले. कार्यक्रम मंडळाच्या संकेतथळार आनी सोशल मिडियाचेर उपलब्ध आसतलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/261

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA